# इतिहासीक राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपली

ता. 26 जानेवारी 2026

सत्तरीतल्या नाणूस किल्ल्याचेर आयज गृह खात्यान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात आमदार डॉ. देविया राणे हांणी राणे बंडाच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

1852 वर्सा पोर्तुगिज सत्तेआड बंड सुरू जाल्लो आनी 26 जानोवारी 1852 दिसा किल्लो ताब्यात घेतलो.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. देविया राणे हांणी सांगलें, आयज आमी आमच्या भारत देशाचो प्रजासत्ताक दीस मनयतना गोंयच्या मुक्ती खातीर त्याग आनी बलीदान दिल्ल्या दिपाजी राणे हांच्या सारख्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करपाक जाय. आमचो इतिहास प्रत्येक नागरिकाक आनी खास करून युवा पिळगेक कळपा खातीर नाणूस किल्लो आनी राणे बंडाच्या स्मारकाचे जतन करपाक जाय, अशें डॉ. राणे हांणी सांगलें.

उपजिल्हाधिकारी श्री. लक्ष्मीकांत कुट्टीकर, आदले आमदार नरहरी हळदणकर, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच, पंच आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनीय स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/67

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.